**मुख्यमंत्र्यान हुतात्मा राजाभाऊ हांका मरणोउपरांत मानपत्र भेटयले**

ता. 20 सप्टेंबर 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज हुतात्मा राजाभाऊ उर्फ नारायण महंकाल हांका तांची गोंय मुक्ती चळवळीतळी देशभक्ती, साहस आनी शौर्याखातीर मरणोउपरांत मानपत्र भेटयले. मुख्यमंत्र्यान आयज आल्तिनावयल्या सरकारी बंगल्यार हुतात्मा राजाभाऊंची नात श्रीमती आदिती अंठेकर हांचे कडेन मानपत्र भेटयले.

हुतात्मा राजाभाऊ उर्फ नारायण महंकाल हांचो जल्म मध्यप्रदेशातल्या उज्जैन हांगा 26 जानेवारी 1923 वर्सा जालो. ते कॉमरेड चितळें आनी वसंतराव ओक हांच्या फुडारपणाखाला सत्याग्रहात सामील जाले. 15 ऑगस्ट 1955 वर्सा तांणी सत्याग्रहीवांगडा बांदावटेनच्यान गोंयांत प्रवेश करून पत्रादेवी हांगा सत्याग्रह केलो. पोर्तुगीज पुलीसांनी सत्याग्रहींचेर केल्ल्या फारपेटांत तांका गंभीर जखम जाली. सहोदरा देवी राय हांच्या सयत तांका एम्बुलन्सीत घालून वेंगुर्ला हांगा सेंट. लुकस हॉस्पिटलांत व्हेले, पुण त्याच दिसा तांका मरण आयले.

हुतात्मा राजाभाऊ उर्फ नारायण महंकाल हांच्या नातीकडेन संवाद साधतना मुख्यमंत्र्यान भारत स्वातंत्र्याच्या 75 व्या वर्सानिमतान गोंय सरकारान गोंय मुक्ती चळवळींत वाटो घेतिल्ल्या गोंय आनी देशाच्या हेर वाठारांतल्या 75 हुतात्म्यांच्या कुटुंबीयांचो सन्मान करपाचो निर्णय घेतिल्ल्याचे सांगलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/554

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji